आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

Date : 01/10/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या शतवार्षिक उत्सवांत वांटो घेतिल्लो. राष्ट्रनिर्माण आनी सांस्कृतीक संरक्षणांत राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघान केल्ल्या योगदानाची तांणी तोखणाय केली. राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाची थापणूक ही हजारांनी वर्सांसावन चलत आयिल्ले परंपरेचे पुनरुज्जीवन जाला अशें तांणी सांगलें. संकश्टाच्या वेळार ताकतिकेन मजतीखातीर वावूरपी स्वयंसेवकांविशी तांणी आदर उक्तायलो.

ह्या निमतान प्रधानमंत्र्यान राष्ट्रा खातीर आरएसएसच्या योगदानाचेर भर दिवपी खाशिल्ले यादस्तीक टपाल शिक्को आनी नाणें जारी केलें. केंद्रीय सांस्कृतीक वेव्हार मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत आनी आरएसएस सरकार्यवाह दत्तात्रेय होसाबाले हे कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

केंद्र सरकारान सरकारी अधिकारी आनी कर्मचारी आनी निवृत्त कर्मचाऱ्यांचो भत्तो 3 टक्क्यांनी वाडवपाक मान्यताय दिल्या. . हाका लागून म्हरगाय भत्तो 58 टक्क्यां मेरेन पावतलो. हे दर 1 जुलय सावन लागू जातले अशी म्हायती केंद्रीय मंत्रीमंडळाचे बसके उपरांत केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णवान दिली. तशेंच देशांत 57 नवे केंद्रीय विद्यालय सुरू करपाचो निर्णय सरकारान घेतला.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी संरक्षण क्षेत्रांत संशोधन आनी उदरगतीचेर आदारिल्ल्या तंत्रगिन्यानाक चालना दिवपा खातीर देशांत नवनिर्माणाक अनुकूल अशी पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाचेर भर दिला. आयज नवी दिल्लींत संरक्षण लेखा विभाग दिसाच्या कार्यावळीत ते उलायताले . संरक्षण अर्थसंकल्पाचो राखणदार म्हूण लेखा खातें संशोधन आनी उदरगतीच्या सुविधांक मार्गदर्शन करपाक म्हत्वाची भुमिका आसा. झुजाच्या काळांत पेन्शन आनी कल्याणकारी येवजण्यो आनी साधनसुविधांचो वापर आनी झुजाची तयारी हातूंतय खात्याची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें.

जीएसटी दरातल्यो सुदार्णाचेर भर दितना संरक्षण मंत्र्यान सांगलें, हें एक प्रगतीशील पावल आसा आनी ताचो थेट परिणाम संरक्षण मळावेल्या खरेदीचेर जातलो. जीएसटी दर उणावाक लागून चड खरेदी शक्य जातली अशें तांणी मुखार सांगलें.

कर्नल सोफिया कुरैशी आनी विंग कमांडर व्योमिका सिंग सारकिल्ल्यो बायलो विकसीत भारताच्यो ब्रँड अँबेसेडर आसात अशें संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हांणी सांगलें. 2047 मेरेन विकसीत भारत जावपाचे दिकेन बायला  फुडाकार घेतात अशें ताणी सांगले नवी दिल्लींत लश्करी नर्सिंग सेवेच्या शंबरव्या स्थापणूक दीसाचा सुवाळ्यात ते उलायताले.

एकत्रीत संरक्षण दळ मुख्यालयाच्या पंगडान आयज आपलो 25वो स्थापणूक दीस मनयलो. एकत्रीत संरक्षण दळाच्या मुखेल कार्यालयांतल्या कर्मचाऱ्यांनी नव्या संयुक्त लश्करी संरचना तयार करपाक आदार दिला अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. सायबर सुरक्षा, कृत्रीम बुद्धिमत्ता आनी अंतरिक्ष संशोधन अशा उदरगतशील वाठारांनीय ह्या दळान योगदान दिलां.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन व्याजदरांत कसलेच बदल करूंक नात. आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी आयज मुंबयंत चालू वित्तीय वर्साचें चवथें द्विमासिक धोरण जाहीर करताना सांगलें.

उत्पादन आनी पुरवनित जाली वाड, आनी जीएसटीतल्या सुदारनाक लागून चलनवाडीचो दर नियंत्रणांत दवरपाक मजत जातली अशें तांणी सांगलें. चालू अर्थीक वर्सा चलनवाड दर 2.6 टक्के आनी जीडीपी वाड 6.8 टक्क्यांचेर उरतली असो अदमास रिझर्व्ह बँकेन उक्तायला .

मजगती रिझर्व्ह बँकेन झिरो बॅलन्स आशिल्ल्या बँक खातेंधारकांक फुकट इंटरनॅट आनी मोबायल बँकिंग सुविधा दिवपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी चलन धोरण पुनरावलोकन समितीचे बसकेचे निर्णय जाहीर करतना दिली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज ईशान्य भारत, आनी छत्तीसगडांत काय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आयसीसी बायला विश्वचषक सर्तीत आयज इंदूरांतल्या होलकर स्टेडियमांत ऑस्ट्रेलिया न्यूझीलंड पांगडा आड खेळटा.  कुरु बावलो  जिखून पयली फलंदाजी करपाचोनिर्णय घेतिला निमाणी खबर मेल्ली तेन्ना ऑस्ट्रेलियेन  49______ षटकांनी 325 धाव्न्द्यो केल्यात

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुंक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर